# सहकार निबंधक कार्यालयान महिला दिस मनयलो

ता.14 मार्च 2018
23 फाल्गुन 1939

सहकार संस्थां निबंधक कार्यालयान आयज गोंय राज्य सहकारी बँकेच्या सहकार्यान संवसारीक महिला दिस मनयलो. पाटो हांगाच्या सहकार संकूलातल्या मल्टिपर्पज सभाघरात आयोजीत कार्यक्रमात मूखेल सोय-यो म्हुण भौशीक गा-हाणी सचिव श्रीमती पद्मा जयस्वाल उपस्थित आशिल्ल्यो.

ह्यावेळार उलयताना श्रीमती जयस्वाल हांणी महिलांनी आपले हक्क आनी अधिकाराविशी जागृत आसपाक जाय. तांणी उच्च शिक्षण घेवन आपलो तशेंच समाजाचो विकास करपाक जाय. आयज महिलांनी सगळ्या मळांचेर फुडें येवपाची गरज आसा, अशें सांगले.

अॅड. हर्षा नाईक हांणी महिलाचे हक्क आनी अधिकार विशयाचेर तर डॉ. दयानंद राव हांणी महिला नेतृत्व विशयाचेर उपस्थितांक मार्गदर्शन केले. ह्यावेळार सहकार संस्था निबंधक कार्यालयातल्यो सिनियर ऑडिटर श्रीमती नयना नाईक आनी श्रीमती सुचीता शिरोडकर, ज्युनियर ऑडिटर श्रीमती ख्रिस्तीना पाल्हा, श्रीमती सुलक्षा नाईक, श्रीमती हर्षा जोशी आनी युडीसी श्रीमती पूजा वाडेकर हांचो उत्कृश्ट सेवेखातीर सन्मान केलो.

सहकार निबंधक श्री. संजीव गडकर हांणी येवकाराचे उलवप केले. पालवी निबंधक श्रीमती प्रतिमा ब्रागांझा, गोंय राज्य सहकार बँकेचे वेवस्थापकीय संचालक श्री. अनंत चोडणकर हेवूय ह्यावेळार हजर आशिल्ले. श्रीमती मेरी फर्नांडिस हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले आनी श्री दिपेश प्रियोळकर हांणी निमणे उपकार मानले.